# PANAJI NATIONAL NEWS 30 DEC 2025

भारत रिफॉर्म एक्सप्रेसाचेर बसून संवसारीक लक्ष केंद्रीत करपाचें केंद्र म्हूण उदेला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. सोशल मिडियाचेर शेअर केल्ल्या लेखांत प्रधानमंत्र्यान म्हणलां, आयज संवसार भारताक आशेन आनी आत्मविस्वासान पळयता.देशांत फुडले पिळगेंतल्या सुदारणां वरवीं नेटान वाडिल्ल्या प्रगतीच्या गतीची संवसार कदर करता अशें तांणी सांगलें. रिफॉर्म एक्सप्रेसाचें मुखेल इंजिन म्हळ्यार भारताची लोकसंख्या, ताची तरणाटी पिळगी आनी देशांतल्या लोकांची अदमती भावना अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.2025 वर्सा भारता खातीर सुदारणांचें वर्स म्हणून याद उरतलें, कारण भारतांत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान मार्ग मोडपी बदल दिसून आयले, जाका लागून देशाच्या वाडीच्या प्रवासांत गती मेळ्ळ्या अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. सरकारान संस्थांचें आधुनिकीकरण केलें, शासन सोंपें केलें आनी दीर्घकाळ, समावेशक वाड करपाची बुन्याद घटमूट केली अशें तांणी सांगलें.

सद्याच्यो गरजो मतींत दवरून आनी आदल्या मनरेगा येवजणेच्यो उणाव पयस करपा खातीर संसदेन विक्षित भारत – रोजगर आनी अजीविका मिशनाची हमी (ग्रामीन): विक्षित भारत – जी राम जी विधेयक संमत केलां अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज सांगलें. आयज भोपाळांत पत्रकार परिशदेंत ते मिडियाक संबोधीत करताले.येवजणेचें नांव बदलपाच्या विरोधकांनी केल्ल्या आरोपाचेर मंत्री म्हणटा, आदल्या काळांत लेगीत विरोधी पक्ष सत्तेर आसतना रोजगार संबंदीत येवजण्यांचीं नांवां जायते फावट बदलताले.श्री चौहान हांणी सांगलें, विक्षित भारत – गॅरंटी फॉर रोजगर आनी अजीविका मिशन (ग्रामीन) हें चड प्रभावी करपा खातीर प्रधानमंत्रीच्या गति शक्तीच्या उपक्रमाक जोडलां. बेकारी भत्तो दिवपाची स्पश्ट तरतूद ह्या मिशनांत आसा, आनी कायद्या खाला गरजेची अर्थीक वेवस्था सुनिश्चीत केल्या अशें तांणी सांगलें.

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्य मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान 2025 वर्स शासन सुदारणां खातीर समर्पित केलें, जाचो हेतू जिणेंत सोयी आनी काम करपाक सोंपें असो आशिल्लो.आयज नवी दिल्लींत वर्साच्या शेवटाक पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री हांणी सांगलें, जिणेची सोय मेळोवपा खातीर सेवा दिवपाक जापसालदार आशिल्ल्यांकय काम करपाची सोय दिवची पडटली.रोजगर मेला आनी केंद्रीकृत भौशीक तक्रार निवारण आनी देखरेख प्रणाली सयत खात्याच्या मुखेल उपक्रमांचेर आनी मार्गदर्शक तत्वांचेर मंत्रीन भर दिलो.ह्य संदर्भार कार्मिक आनी प्रशिक्षण खात्याचे सचीव रचना शाहान 2025 वर्सा तीन राष्ट्रीय रोजगर मेला आयोजीत केल्ले, ह्या वेळार वेगवेगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी सुमार देड लाख नेमणुकेचीं पत्रां जारी केल्लीं अशी म्हायती दिली.

केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी आर पाटील हांणी आयज जल जीवन मिशन खाला सेवा दिवप आनी समुदाय मालकी घटमूट करपा खातीर जल सेवा आंकलनाची आभासी सुरवात केली. जल सेवा आंकलन हें जल जीवन मिशन पोर्टलाचेर ग्राम पंचायतीच्या फुडारपणा खाला डिजिटल पिवपाच्या उदका सेवा कार्यक्षमताय मूल्यमापन साधन आसा अशें जल शक्ति मंत्रालयान सांगलें.

बायलां क्रिकेटांत आयज केरळांतल्या तिरुवनंतपुरम हांगाच्या ग्रीनफील्ड इंटरनॅशनल स्टेडियमाचेर भारताची 5वी आनी निमाणी टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत श्रीलंका आड खेळटली.सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली. हरमनप्रीत कौर हांच्या फुडारपणा खाला वीमेन इन ब्लू ही मालिका निवळ स्वीप करपाक पळयतली, कारण ते पयलींच 4-नील अशी अप्रत्यक्ष आघाडी घेवन 5 मॅचींच्या मालिकेंत फुडाकार घेतात.

भारत हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत उत्तर प्रदेश, पंजाब हांचेर सकाळीं आनी रातच्या वेळार खूब दाट धुकें पडटलें असो अदमास काडला.हवामान एजन्सींतल्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद, आनी मध्य प्रदेशाचेर दाट धुकें पडटलो असो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन दिल्ली, झारखंड, अरुणाचल प्रदेशाचेर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत मध्य प्रदेश, झारखंड आनी छत्तीसगड ह्या वाठारांनी आयज थंड ल्हारांचो परिस्थिती खूब शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.